व्यास

विश्व कोंकणी बालसाहित्य माळा 2



व्यास

बरोवपी

जयश्री शानभाग

मुखेल संपादक

बस्ती वामन शेणै

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान (रि.)
विश्व कोंकणी केन्द्र, मंगळूर

व्यास

VYASA (Konkani) – a life-sketch for children written by Smt. Jayashri Shanabhag Publishers: Konkani Language and Cultural Foundation (R), World Konkani Centre, Shakti Nagar, Mangalore.\

First Print: 2011

पयली आवृत्ती : 2011
© **कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान (रि.)**

विश्व कोंकणी बाल साहित्य माळा प्रकाशन
गोंया कोंकणी अकादेमी
पाटो कॉलनी, पणजी, गोंय.

उजवाडावपी:
कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान (रि.)
विश्व कोंकणी केन्द्र, कोंकणी गांव, शक्तीनगर, मंगळूर

कला आनी अक्षर जुळणी:
विश्व कोंकणी केन्द्र,
साहित्य विभाग

मोल:
रू.: २०/-

प्रस्तावना

भारत देश ५००० वरसाचो इतिहास आनी प्राचीन संस्कृती आशिलो देश. ह्या महान देशांत हजारोहजार श्रेष्ठ दार्शनीक, राजा महाराजा, साहित्यकार, ज्ञानी, विज्ञानी, जल्माक आयल्याती. जगांतुले बुद्धिजीविंक, सरळ सामान्य लोकांक, दारल्यांक बायलांक, तर्नाट्यांक, चर्डुवांक तांगेले जीविताचे कार्य सिद्धीचे फल, जीविताचे संदेश आनी संसारांत चल्न येवची वाट आनी पायवाट सांगून दाकोन्न गेल्याती. भारतांत सनातन धर्म, बौद्ध, जैन, सिक्ख, इस्लांम, क्रैस्त धर्म आनी वेगवेगळे ध्येय, सिद्धांत आनी कार्यक्रम मांडोन्न घेतीले, राजकीय समाजिक संघ संस्थांय भारत देशांत आसती. आनी त्या त्या संस्थयांचे, धर्माचे दार्शनीक, मुखेले तांगेले कार्य, सिद्धांत, आनी विचार संसाराक बोधन करन गेल्याती.

वयर सांगिले महात्म, राजामहाराजा, दार्शनीक आनी धर्मीक, सामाजीक, सांस्कृतीक क्षेत्रांतुलो

म्हा मानेस्तांगेले जीवित, जीवनाचें दर्शन आनी कार्य ल्हान प्रायेचे चर्डुवांक, विद्यार्थी विद्यार्थिनींक सांगल्यारी, वाडुन येवचे मुखावयले पिळगीक एक आदर्श दाखोवन दिलेयावरि या सांगिलवरी जातलें. ह्या खातिर प्रकाशन जावचे कोंकणी भाषीक श्री. कार्कळ अनंत पै (अंकल पै) लें अमर चित्रकथा, चंदमामा महिन्याळें, भारत भारती पुस्तकां, चर्डुवाल्यांत मात्र न्हंय, घरांतुले तांगेले म्हालगड्यांकय खूब आवडलेलें आसा. अमर चित्र कथा तांतूय भारतांत मात्र न्हंय, विदेशांतूय खूब प्रसिद्ध आनी जनमोगाळ जालेलें सर्वांक कळूनची आसा.

कोंकणी भाशेंत बालसाहित्य खूब ऊणे आसा. बरें बाल साहित्य उजवाडाक हाडून कोंकणी बाळाल्यांत पुस्तक वाचूचे आनी साहित्यांत अभिरुची हाडचे अगत्य आसा, म्हळेलें मनांत घेवन कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठानाचे वतीन विश्व कोंकणी केन्द्राचे आनी विश्व कोंकणी साहित्य अकाडेमीचे मुखावयले योजनादावन,

विश्व कोंकणी बाल साहित्य उजवाडाक हाडचे ठरयलां. ह्या पुस्तक मालिकेंत प्रपंचांतुले मुख्य जावन भारत देशाचे मानव श्रेष्ठांगेले जीवित आनी कार्यांचे माहिती दिवचे ल्हान ल्हान पुस्तकां प्रकाशन करन बाळाल्यांत कोंकणी साहित्य जनमोगाळ करचें उद्देश आसा. हाका कोंकणी चर्डुवालें आनी तांगेले वडीलांगेलेय प्रोत्साहन मेळतलें, आनी तान्नी उगते मनान स्वीकार करतले अशें आम्मी आशेताती.

व्यास महर्षीलें जीविताचें विषयांत हें पुस्तक बरोवन दिलेले श्रीमती जयश्री शानभाग हांका देवु बरें कोरो. पुस्तकाचे मुखचित्राची कल्पना आनी डीटिपी विश्व कोंकणी केन्द्रांत जाल्या. पुस्तक छापसून दिलेले कोडवर्ड प्रासेस आनी प्रिंटर्स मंगळूरु आनी विश्व कोंकणी बाल साहित्य पुस्तक माळा प्रकाशन, **गोवा कोंकणी अकादेमीचे** देणिगा. हांका देव बरें कोरो.

विश्व कोंकणी केन्द्र
फे. १४, २०१२

बस्ती वामन शेणै
अध्यक्ष

व्यास

यमुना नदीचें तीर. ताचा किना-याक लागून वाडिल्लीं ऊंच ऊंच झाडा – पेडां. थंयसरच एक ल्हानशी झोपडी. ताचे कुशीक न्हंयचे काठाचेर थारायलें व्हडें आनी ताचो व्हलो; लागसर रेवेंर पसरून पडील्लें नुस्ते मारपी जाळें; एक दोन गरयो; व्हांवपी वाऱ्या बरोबर नाकांत भरपी मेल्ले नुस्त्याची घाण.

ती झोपडी मच्छिमारांच्या वसणूकिंतली जावन आसली. त्या वसणूकिच्या धनियाचें नांव आशिल्लें दाश.

ते दिसा सांजवेळा काम आटापून आपले खोंपयेंत बसून दाश जेवतालो. ताची पोसकी धूव सत्यवती बापायक वाट्टाली . झोपडेंत रावपी तीं दोगांच. हेर नुस्तेकारांच्यो झोपड्यो कुळागराचे कुशीक आशिल्यो . जेवत आशिल्या

नुस्तेकार दाशाले शिटूक कानाक भायर कांय तरी आवाज आयकलो.

"बाय सत्यवती, भायर माताशें पळय तें किदें" म्हळें. सत्यवतीन झोपडेचें दार मातशें उकतें करून पळयलें.

"बापा, कोणतरी मनीस आयला"

"कोण तो?"

"हांव नकळ. ह्या पयलें हांवे केन्नाय पळोवंक ना! ताका."

"दिसपा तरी कशीं आसागो बाय?"

"माथ्याचे केंस सगले वयर उखलून शेंडि सारकी गांठ मारल्या. गळ्यांत मणयांची माळ, हातांत दंड-कमंडल, पांयांत खडाव, न्हेसण दोऱ्याचें."

"जाणटो कि तरणाटो गो?"

सत्यवतीन हासत म्हळें - "आसत घडये तरणेपणाचो. ते खाड आनी मिशये बोवाळांत वळखुचें कशें बाप्पा?"

"बाळा म्हजा, तो कोणतरी ऋशीच आसपाक जाय. पलतड वचपाक सोदता बी आसत. मोगा म्हजा, हांव जेवपा बसलां .... तूंच ताका दोणयेर पलतड सोडून यो. वेळ व्हगडायल्यार तो रागार जावन स्राप बी दितालो. चल म्हजा आवय गे, बेगीन चल."

सत्यवती सटासट भायर आयली. त्या मनशान मोन्यानच दोणिचे दीकेन बोट दाखयले. तीणे भियेत भियेत बांदिल्ली दोरी सोडोवन दोणी न्हयंत धुकल्ली. तो सट्ट करून एकच उडकी मारून व्हडयेंत बसलो. सत्यवतीय दोणयेचे आनी एक कोनश्यार बसून व्हलो मारपाक लागली, व्हडें ल्हवूल्हवू पलतड वचपालागलें.

तो तिका एकटक पळयतरावलो .... गोरीपिठ्ठ पुनवेचो चंद्रीमशी दिसता. पुणून कितें? तिच्चा आंगांतल्यान नुस्त्याची घाण सुटिल्ली. त्या दुर्गंधाक लागून ताणे आपलें नाक धांपलें. नुस्त्याची ही एक कुबटसाण नासली जाल्यार, चली सुंदर, आपल्याक बरी सोबतीण जातली आसली, अशें ताणे चिंतलें. आनी ताणे आपले तप:शक्तीन नुस्त्याची घाण निवारण करून तिच्या आंगांतल्यान कस्तुरीचो परमळ पसरायलो. हो चमत्कार तिचेय लक्षांत आयलो... ती ताका पळोवन हासली; तोवूय हासलो.

इतल्यांत व्हडें न्हंयचे मदीं आशिले एक सड्या लागीन पावलें. थंयसर भरपूर झाडापेडां आसून पाचवेंचार दिसतालें; रंगीबेरंगी सवणीं पुदुक् पुदुक् करून नांचतालीं. सैम सोबीत आनी सुखदीणो आशिल्लो. तीं दोगांय थंय उतरलीं ...... एकमेकाक इश्टागत जाली; आनी तीं दोगींय एकामेकाक सांगातूय जालींत.

तो आशिलो पराशर मुनी. पराशर आनी सत्यवती हांचो पूतच व्यासमुनी.

तूं आपय; हांव पावतालों

व्यास हें एका व्यक्तीचें नांव न्हय. तें मानाचें एक किताब. प्रति एक द्वापर युगांत एक व्यास अवतार घेता. फुडलें द्वापर युग येतामेरेन हो व्यास गादयेर आसतालो. सद्या जो व्यास आसा ताचें नांव कृष्णद्वैपायन. तो रंगान काळो देखून कृष्ण; यमुना नदीचे द्वीपार जल्म घेतिल्लो देखून द्वैपायन; वेदाच्चो चार वांटणी करून विंगडायल्लो म्हणून तो वेदव्यास. बदरींत ताचें आश्रम आसा आनी तो थंय वसता म्हणून तो बादरायण – अशें कितले तरी नांवांन ताका वळखतात. आमी सद्या ताका व्यास अशेंच म्हणुंया.

. व्यास ऋषीच्चो खुबूच काणयो आसात. दर एके काणयेंत ताचें व्हडपण आनी प्रतिश्टेचें पडबिंब दिसता.

व्यास जल्मा येतकच वाडलो आनी व्हड जालो. वेद, शास्त्र, पुराण, इतिहास, काव्य आदी सगल्यांची जाणीव ताका तेन्नाच आयिल्ली. किदेंय म्हणा पराशर ऋषीचो पूत व्हयमूं तो!

व्यासान आपले आवयचे पांयांर माथें तेंकलें- नमस्कार केलो. सत्यवतीन मोगान ताच्या माथ्यार आपलो हात फिरयलो. व्यास उबोरावन आवयक नमस्कार करीत "माते, म्हाका पळयन अशें तुका जेन्ना दिसता, तेन्ना उलो मार. हांव खंय आसल्यारूय रोखडे पावतालों"

"हरकत ना बाळा .... तशेंच जावोंदी" अशें आवय सत्यवतीन म्हळें. व्यासान आवयचो निरोप घेतलो आनी तपश्चर्या करपाक तो बदरीक गेलो.

खूब वर्सां जालीं

त्या दिसानी हस्तिनावतींत शंतनु नांवाचो राजा राज करीत आशिलो. ताणें एक दीस सत्यवतीक पळयलें. तो तिजे बरोबर लग्न जालो. तांचे चित्रांगद आनी विचित्रवीर्य अशें दोन चले भुरगे जाले. चित्रांगद ल्हानपणांतूच मरण पावलो. विचित्रवीर्य हाच्यो अम्बिके आनी अम्बालिके अशें दोन बायलो. लग्न जाल्ले थोडे दिसानी विचित्रवीर्यूय मेलो. ताचीं भुरगीं नासलीं. म्हणून हो राजवंश मुखार वाडनाशीं अशें व्यर्थ वतलो ही खंत सत्यवतीक लागली. अशें वेळार तिका खूब फाटी, पुत्र व्यासान दिल्लें उतर याद आयलें. तीणे मनांत व्यासाचें ध्यान केलें. इतल्यांत व्यास हस्तिनावतीक आयलो आनी आपले आवयक पांयां पडलो.. "आई, ... सगलीं बरीमूगे? .... कित्याक, आतां म्हजी याद काडली?" अशें प्रश्न केलो ताणे. सत्यवतीन आपली चिंता ताका सांगली.

व्यासाचे कृपेन सत्यवतीच्यो सुनो अंबिका आनी अंबालिका हांका दोन चलेभुरगे जल्मा आयले. एकटो धृतराष्ट्र आनी एकटो पांडू. तेचप्रमाणे राजवा ंतल्या एक दासीकूय एकटो चलो जल्मा आयलो तोच नीतिवंत म्हणून फामाद जाल्लो विदुर.

धृतराष्ट्राचीं भुरगीं कौरव; आनी पांडव हे पांडुराजाचें भुरगे. व्यास नाशिल्लो तर कौरव नासताले आशिले; पांडवूय नासताले आशिले; महाभारत युद्धूय घडना आशिले; इतलेंच नय महाभारताची काणीच नासताली आशिली.

"माते... यो म्हजा वांगडा"

कीतलींशीं तरी वर्सां नंतर पांडुराजान मरण पाविल्ले वेळार सत्यवतीन आनी एक फावट व्यासाची याद केली. व्यास रोकडोच आयलो. सगल्यांक समाधान सांगलें; धीर भरलो. ह्या फावट आवय सत्यवती खूब

म्हातारी जाल्या अशें दिसलें. कष्ट, दुःख पळोवन पळोवन तिकाय बेजार आयील्लो. व्यासाक हें लक्षांत आयलें. ताणे म्हळें ...... "माते... आतां काळ पक्व जाला... तूं हो परीवार, हीं भुरगीं–बाळां हें सगलें सोडून वनांत वचून देवाचें ध्यान करीत समाधानेन दीस सोंपोवपाचें बरें अशें म्हाका दिसता. तूं आतां म्हजे सांगाता यो... तुका जाय तसलो जागो हांव दाखयतां".

सत्यवतीन पूत व्यासाचें हें उतर मानलें. तिच्यो सुनो अंबिका आनी अंबालिका लेगीत मांयचे वांगडा वनांत येतलीं म्हणून भायरसरल्यो. पुणून हें तांचे भुरग्यांक, घरचे हेर लोकांक मान्य नासलें. सगल्यानीं रडत रडत "वचूनाकात" म्हणून आडायलें.

व्यासान सगल्यांक समाधान आनी उपदेशाचीं दोन उतरां सांगून, निरोप घेवपाक गांवचे शिमेमेरे पर्यंत आयिल्ले लोकांक फाटी परतायलें.

अशें चलत चलत ते सगले चकचयाळ रानांत पावले. थंयसर एक सडयाचेर येवन थांबले, थंय ऊंच ऊंच रूख आशिले. लागींनच एक व्हाळ. तांतूंन कितलीशीं साळकां फुलीलीं, उदक आनी सावळी आशिल्लो हो प्रशांत प्रदेश व्यासमुनीक खूब आवडलो. थंयच एक विस्तीर्ण तळपाचो आधार घेवन मुनीन रुखाचे खांदे, व्हडलीं व्हडलीं पानां एकठांय करून हाडलीं; आनी आपले आवयक वेवस्थीत एक पर्णकुटी रचोवन दिली. तान लागत जाल्यार कमळपत्राचो दोणो करून तांतून उदक भरून हाडपाचें कशें तें दाखोवन दिलें. भूक लागत तर रानटी फळां, कंद–मूळ आदी कशें सोदून हाडपाचें तेंवय शिकयलें, अशें आवयची सेवा करत व्यासमुनी थंयसर चारएक दीस रावलो.

पुण कितले दीस रावतालो ....? ताचे आश्रमाक ताका परतून वचपाकच जाय आशिलें. तो दीस लागीं

पावलो. आवयक पांयां पडून आपण भायर सरतां अशें आवयचो निरोप मागलो. आपली आनी आवयची ही अखेरची भेट हें तो तप:शकतीन जाण आसलो. ऋषी, संयमी जरी आसलो मन अधीर जालें ताचें; आनी नकळत ताचे दोळे भरून आयले. सत्यवतीन पुताक मोगान वेंगेंत घेतलो आनी माथ्यार हात फिरयलो. तिचेय दोळे भरून आयले. "चल बाळा... वचून यो, अखंड कीर्तीवंत जा....." अशें तीणे आशीर्वाद केलो. "बरें आई... वचून येतां." अशें म्हणत गायेक सोडून वचपाक तयार नासलें वासरुं सो आवयक परतून परतून फाटी फिरून पळयत चल्लो. व्यास मुनीन परतून वतकच सत्यवती, अंबिके आनी अंबालिके हे तिघांनूय वनांत फळां, कंद-मूळां खायत, देवाचें ध्यान करीत आपले शेवटाचे दीस सोंपयले.

"हे न्याय न्हय"

धृतराष्ट्र जरी मनान बरो, ताचे भुरगे कौरव सगले वायट, पातकी नावाडगे. तांका पयलेपासून पांडवांचेर दुस्वास–मत्सर. तांची कशेंय उदरगत जावपा नजो अशें कौरवांची इत्सा आसली. कीदेंय तरी करून पांडवांचें राज्य झोंबून घेवका म्हण वाट पळयत आशिल्ले. कौरवांचो मामा शकुनी. तो तांका कुसडे उपाय, शिकोवन दितालो. ताणें सांगिले प्रमाणें एक दिस कौरव पांडवानी फांश्याचो खेळ मांडयलो ...... हो जुगार.... खेळपाक नजो हो विशय राजा धृतराष्ट्र जाणा आशिल्लो. विदुराकूय हें खबर आशिल्लें. पुण हांचे उतराक कान दितलो कोण? आनी विदुरान सांगिलेभशेन खंडतुंड जावन धृतराष्ट्रान सांगलेय ना. किदेंय जरी जावोंदी .... कौरव सगले ताचेच भुरगे न्हय?!!

पांडवांतल्या वडील धर्मराजान शकुनीचे फटोवपाक लागून द्यूतांत आपलें सबंद राज्य व्हगडायलें. आनी कौरवांकूय तेच जाय आसलें. ताणीं पांडवांक जसाचें तशीं रानांत धाडलें.

व्यास मुनीक हो विशय कळटकीर तो नीट हस्तिनावतीक आयलो. धृतराष्ट्रान ताका गौरवपूर्ण येवकार दिलो; पांयांपडलो आनी श्रेष्ठ आसनाचेर बसयलो. पांडवांक वनवासाक धाडिल्लो विशयबी व्यास काडत काय अशें धृतराष्ट्राचें काळीज पुकपुकतालें. न्हय जाल्यार व्यास इतले ताकतिकेन हस्तिनावतीक आयलो तरी कित्याक?

"किदें रे धृतराष्ट्रा, तूं कुळाक वडील जावन आसून लेगीत पांडवांक अशें वनवासाक धाडप योग्य दिसलें तुका? तुजे भुरग्यांक मातशी समजावणी सांगपा नाका आसली?" व्यासान विचारलें.

धृतराष्ट्रान कांय जाप दिवूना. फक्त आपली मान सकयल घाली. इतल्यांत विदुर थंय पावलो. व्यासमुनीक भक्तिपुरस्सर आपलो नमस्कार केलो. "कीदें रे बाबा विदुर? तूं तरी त्या मुर्खाक बुद्द सांगपाची न्हय?" व्यासाचो प्रश्न आयकून विदुर सामको खजील जालो. ताचे दोळ्यानी दुःखां भरलीं. विदुराक पांडवांचेर खूब मोग आशिल्लो. "धृतराष्ट्रानूय बुद्द सांगली मुनिवर्या... हांवेय सांगलें. पुणून दुश्टानी आमचे उतराक मान दिवूना." अशें सांगत विदुरान लजेन आपली मान सकयल घाली.

व्यासमुनीन धृतराष्ट्राक रागान दोळे मोटे करून पळयत "तुज्या भुरग्यांचे गुण तूं जाणाम् धृतराष्ट्र?.... तांतून दुर्योधन तर महादुश्ट. कित्याकूय भियेना तो हें जाण आसलोमू तूं? तसले पुताचे मोगाक लागून तूं आशें गप्प बसलो न्हय?" अशें म्हण थोमणे मारले.

व्यासाचीं हीं उतरां आयकून धृतराष्ट्र सामको गडबडलो. कितें जाप दिवपाची तेंच कळना जालें ताका. व्यासाचे उतरांत कांय उत्प्रेक्षा नासली.

"विनाशकाले विपरीत बुद्धी...... अशें म्हणतात. तें फट न्हय. पांडवांक अन्याय केल्ले कोणाकूय बरेपण जायना. हें मतींत धर. साक्षात श्री कृष्ण तांचे तरफेन आसा हें विसरलो तूं? पांडवांचें राज्य तांका परतून दीवन तांचे बरोबर बरेपणान वागपाक तुजे भुरग्यांक .... तांतुनूय तुजे मोगाचे दुर्योधनाक पयलें सांग. मतींत धर धृतराष्ट्र, पांडवां बरोबर वैरत्व केल्यार कौरव कुळाक कल्याण जायना. केल्ले पापाक योग्य तें फळ भोगका पडटलें. म्हजें हें उतर खंयतर बरोवन दवर." अशें म्हणत, रागान फडफडत व्यास उठून गेलो.

धृतराष्ट्राक ह्या उतरानी वीज मारले भशेन जाली. ताच्या आंगांनि थरथरसो शिरलो. ऋषी वाक्य केन्नाय फट वचना, हें तो जाणा आसलो.

"दोन दीस थांब हां........"

थंयचान उठिल्लो व्यास पांडवांक सोदून राना वाटेंनी चलपा लागलो. कांय दिसानी तो पांडवांनी वास्तव्य केल्ले कडेन येवन पावलो. अचकीत आयिल्ले व्यास मुनीक पळोवन पांडवांक खूब आनंद जालो. सगल्यानी मुनीक नमस्कार केलो. ताणीं जेवपाक म्हण केल्ली आंबील व्यास मुनीक वाडली. तांतून उरलेली आंबील पांचूय भाव वाटणी करून जेवले. वनवासाचे कष्टाचे दिसां संबंदी उलयत आसताना दोळ्यां उदक काडीत कुशीक उबें राविल्या द्रौपदीक पळोवन व्यासाचे मन भारवेलें.

"बायगो द्रौपदी....... तूं दुख करूनाका. हे कष्टाचे दिवस खूब तेप तिगनात. धर्माक जय मेळून अधर्माक अपयश मेळपाचे दीस पयस नात. आतां थोडेक दीस हे त्रास मातशे सोसपा जाय. पांडव गुणवंत; शूर-वीर. तांचो जल्म जाल्लोच कौरव कुळाचो काटो काडून उडोवपा खातीर. तूं किद्‌या अधैर्य पावता आनी दुखां गळयता? समाधान करुन घे." अशें व्यासान म्हळें.

हें आयकून पांडवांचे मन निश्चिंत जालें. व्यास दोन दिवस पांडवां वांगडा रावून मागीर भायर सरलो.

कौरव पांडवाले मजगतीं वैरत्व पयस जाल्लेच ना. युद्ध घडून आयलेंच. महाभारताचें झूज अठरा दिवस चल्लें. युद्‌ध चालू आसताना व्यासमुनी मदीं मदीं युद्‌ध भूंयंत यो – वच करी. शक्य – तितलें पांडवांचे बरेपणाची काळजी घेताले. एकफावट दुर्योधनाक पळोवन युधिष्ठिराक खूब राग भरलो; आनी ताका मारपाक म्हणून धनुश्य

बाण तयार केले. इतल्यांत खंयचानतरी व्यास प्रत्यक्ष जाले आनी ताणीं म्हळें "धर्मराया हें तुजें काम न्हयरे. हें काम आपणूच करतां अशें सोपूत घेतलां तुज्या भाव भीमान. ताचें काम ताकाच आसों दी." म्हालगडयाले उतराक मानदिवून धर्मरायान आपल्या रथाची दिशा बदलपाक सारथीक सांगलें.

नंतर महाभारत युद्धांत भीम आनी दुर्योधना मदीं लडाय जाली. अखेरीक भीमान आपले गदेन दुर्योधनाची जांघ तोडून ताका पाडयलो; रणभूमिंनी दुर्योधनाचो प्राण वचत आशिले आयकून धृतराष्ट्र विदुराक सांगात घेवन थंय पावलो. आपले पुताची ही दुर्दशा पळोवन ताका खूब दुख जालें.

"तुजींच भुरगीं अशें मानून घे"

"धृतराष्ट्र...बाळा.... समाधान करून घे. सगल्यांत वडील आसून तुंवेच अशें धीर सोडल्यार कशें?" ताचे

फाटिचेर थापटायत व्यासान म्हळें. “म्हाका आनीकूय वांचून आसपा जाय अशें इत्सा ना. म्हजे सगले भुरग्यांक मरण आयले उपरांत हांवे कित्याक वांचून उरपाचें?” धृतराष्ट्रान म्हळें.

“किदें म्हण उलयता? जें घडपाचें आसा तें घट्टातूच. तांचे नशीबांनी तशें बरयल्लें. युधिष्ठिरान सांगिल्लें याद आसामुरे तुका? हो मत्सर नाका; आमकां अर्ध राज्यूय नाका. फक्त पांच खेडीं दिल्यार पुरो. राजी करून घेवुयां. बेटेंच किद्या झगडे – झूजां आमचे मदिं? – अशें म्हळळेंमूं? दुर्योधनान खंय कानदिले त्या उतराक? आसूंदी...... तूंबापूय. तूंवे सांगिले उतरांकतरी मान दिलो ताणे? हे चोय कौरवांक केन्नाय अन्यायाची बुद्द. पांडव न्यायवंत. प्रती एकटयाचीं कर्मफळां ताणींच भोगची पट्टात, तू आतां कित्याक व्यर्थ प्रलाप करता? चल राजवाडयाक. पांडवांकूय थंय आपोवन घे. तांकांच तुजे स्वताचे भुरगे म्हणून मानून घे.” अशें व्यासान

धृतराष्ट्राक समजिकाय घाली. आनी विदुराचे वांगडा राजवाडयाक धाडून दिलो.

युधिष्ठिर जितलो वीर तितलोच काळजान बरो. कौरवानीं केल्ले चुकीक, दिल्ले पीडेक, केल्ले छळपाक तांचे वध करचे नंता वेगळो उपायूच नासलो. तरीय जें घडलें ताका लागून युधिष्ठिराक बेजार आशिलो. गांधारीक पळयत जाल्यार मन भरून येतालें. युधिष्ठिर आपले भावांक घेवून गांधारीचे पांयांर पडून व्हडली चूक केल्लेभशेन रडपा लागलो. जल्मजात कुडडो धृतराष्ट्र जाणों हो संवसार पळोवंक ना, तसले घोवाची योग्य घरकान्न जावन आसपाखातीर ती केन्नाय दोळयांक पट्टी बांदून रावताली. आपले सगले भुरग्यांक व्हगडायलें दुख त्या पतिव्रतेचे मनांत खतखत्तालें. युधिष्ठिर लागीं येतकच ती रागान उजो उजो जाली. त्या घडयेक तीणे एक शब्द जरी उलयल्लो तो स्राप जावपा शकता आशिलो.

युधिष्ठिर, भीम, अर्जुन आदी भावंडानी तिका वाकून नमस्कार केलो तेन्ना तिचें तोंड रागान तांबडें लाल जालें ओंठ थरथरले, कपळाक आंठयो पडल्यो... तिचे तोंडांतल्यान स्रापाचें उतर भायर सरता इतल्यांत ही गजाल अशें जातली हें जाणूनच व्यास मुनीन रोकडे तिचे तकलीर हात दवरून "हांव गे......व्यास" अशें म्हळें. व्यासाच्या आवाजाक आनी स्पर्शाक गांधारी दचकली. जिबेर आयिल्लें वायट उतर थंयच गिळून उडयलें. "बाय गांधारी,.... याद दवरून घे.... रागाचे भराक केन्नाय विचारशून्य जावनाका. तशें पळयल्यार पांडवानीं केल्ली चूक तरी कितें? ताणीं नेमान धर्मपालना केल्या. जावपाचें कांय चुकोषवपा जायना. तूंवें समाधान करून घेवप. ह्या पांडवाकूय तूं आपलीं भुरगीं अशीं मानून घे." अशें म्हळें.

कुळाचे वडील व्यासमुनीच्या उतरांक गांधारीन लजेन आनी दुःखान तकली सकयल घाली. तीणें

व्यासमुनीचे पांय धरून नमस्कार केलो. आपलें दुःख पोटांतूच गिळून घेतलें. पांडवांक एकेकल्यांक लागीं आपोवन आपलो मायेचो हात तांचेर दवरलो.

"भिजूडसो वागतामुरे!"

शेणिल्लें राज्य पुराय जिंकून सिंहासनाचेर बसलो तरीय युधिष्ठिराच्या मनांतली खंत पयस जावूं नासली. हो बोवाळ सगलो पळोवन ताका वाज आयिल्लो. ताका ह्या संवसारा वयरच वीट आयिल्ली. सगलें सोडून रानांत वचून तपश्चर्या करप अशें तो चिंतता आशिल्लो. हो विषयु व्यासाचे लक्षांत आयलो आनी एक दिवस अचकीत तो राजवाड्यांत आयलो. उठून नमस्कार केलया युधिष्ठिराक मायेमोगान लागीं बसोवन घेतलो. "किदेंय तरी गंभीर विचारांत बुड्ला अशें भावता" व्यासान म्हळें. युधिष्ठिर

ओगीं रावलो. "म्हजे कडेन सांगपाक्य तुका भीड बी दिसता कि कितें?"

"तशें कांयना ..... कांयतरी बेजारसो...." ताणे उतर टाळपाचो प्रयत्न केलो.

"तुजी व्यथा जाणा हांव ...... म्हजे लागीं कित्याक लिपयता? एकंदर त्याग करून सन्यास घेवन रानांत वचप हो विचारमू तुजो?" "सारकें वळखले मुनिवर्या तुमी. ह्या दीसानी मन तशेंच चिंतता." युधिष्ठिरान ल्हवूच सांगलें. हें आयकून व्यास मोठयान हासलो "पिसोमुरे सामको! वनांत वता? कसलो दारलोरे तूं? युद्धांत धिटायेन झूजिल्यांन तुमका मेळपाचें सगलें न्यायान परतून मेळें. आतां बरेभशेन राज्यभार करपाचें सोडून राना वता?! तूं क्षत्रिय कुळांत जल्म घेतिल्लोमूं? क्षत्रिय धर्म कितें सांगता? भीजूडसो वागतामुरे! शंख–लिखिताची काणी तूंवे आयकल्या?"

"ना गुरुदेव"

"तर घे...ही आयक– आदले तेपार शंख आनी लिखित अशें दोन भाव आशिल्ले. दोगीं ऋषी. शास्त्र, धर्म सगले जाणा. देखून ह्या दोगांक पळयल्यार सगले गौरव दिताले. रानांत एके कडेन तांचे आश्रम आशिल्लें. एक दिवस शंख खंयतरी भायर गेल्लो. तेन्ना लिखितान ताचे रूखार जाल्लीं फळां काडून खालीं. व्हडले भावान परतून येतकच आपणें अशें केलें हें लिखितान सांगलें. घे! शंखाक भरलो राग "तूंवे केल्ली ही चोरी. हाका योग्य शिक्षा दिवपा जाय. शिक्षा दिवपाचो अधिकार राजाचो. देखून तूं आतां राजा कडेन वच" अशें म्हळें. लिखित विधेय जावन राजा कडेन वचून आपणे केल्ली चूक सांगली. राजान "कातरून उडयारे हाजे दोनींय हाथ" अशें आज्ञा दिली. आपले कापिल्ले हाथ घेवन शंखा म्हर्यान आयलो आनी "अण्णा हें पळे..... म्हाका

शिक्षा मेळ्ळी" अशें दाखयत सांगलें. "बरें... आसा .....
आतां न्हावून यो" म्हळें. लिखितान न्हंयत वचून डुबकी
घेतली. आहा! कितें अजाप! ताचे कापिल्ले दोनी हातूय
शाबूत रुजले!

युधिष्ठिर आतां म्हाका सांग – लिखिताचे हात
कातरपाक आज्ञा दिल्ले राजाक लिखिताचेर द्वेश
आशिल्लो व्हय? ना. राजान फक्त आपले क्षत्रिय धर्माचें
पालन केलें. शंखान धाकटे भावाक शिक्षा दिली ....
तीवूय ताणें केल्या चुकीक शिक्षा दिली तशें क्षत्रिय धर्म
पालन करचो तुमचो धर्म. हो कुळाचो धर्म सोडून तूं
तपश्चर्या करपाक वतां म्हणता न्हय? हें वैराग्य कित्याक?"

युधिष्ठिर मोन्यान बशिल्लो. व्यासान म्हळें "हे
चोय, तुका आनीकूय एक काणी सांगतां. आदीं देवतेंक
आनी राक्षसांक होड झुज जालें. तेंवूय राज्याखातीरच.
खरें पळयल्यार देव आनी राकेस दोगीं भावंडांच. बरे

काम करपी देवता आनी दुष्ट काम करपी राकेस. आतां ह्या युद्धाक कारण राक्षसालें घमंड; ईर्षा. देवताले पक्षांतले कोणतरी राकेसांचे पंगडांनी मेळ्ळे. सगले वेदाध्ययन केल्ले पंडितूच. पुणून युद्ध चलताना देवांनी ह्या पक्षभृष्टांकूय मारून उडयलें. म्हणून पाप आयलें तांका? ना! ताणीं अन्यायाक दिल्ली ख्यास्त ती. एक दुश्ट व्यक्ती निमतान एक चोमो, एक वंश, एक देश, नश्ट जाता जाल्यार तसलें दुर्बीज नाश करुन उडोवपाचें चूक न्हय. आतां म्हाका सांग कौरवांच्या वायट करणीक पांडवांनी केल्लें ही चूक व्हय? ना... तुमची कांयच चूक ना. आतां तरी राज्य सोडून रानां वचपी विचार साडून दी."

"तुमी सांगपाचें सारकें आसा.....पुणून.... " युधिष्ठिरान अर्ध्यारूच थांबयलें.

"कितें? उतर थंयच गिळ्ळें?" व्यासान म्हळें.

"अर्जुनाचो पूत्र अभिमन्यु अजून सोळा वर्ष पिरायेचो भुरगो...आमचे दोळ्या मुखार सणसणीत गेल्लो कशें विसरपाचें? म्हजें मन तें येवजून अजून दुख्खी जाता." युधिष्ठिराचो गळो भरून आयलो; दोळे डबडबीत जाले. व्यास एक घडीभर गप्प रावलो.

"तो शींवाचो पील"

"व्हय, तुमी कोणूय लागीं नासले पळोवन कौरवानी अभिमन्यु एकटयाकच चक्रव्यूहांत शिरकावन, फटोवन मारलें. तें हांव जाण. झूज म्हळ्यारच तशें रे बाबा... तुकाय खबर आसा तें युधिष्ठिरा. सैन्यांत कोण मामा... कोण काका.....?! अभिमन्युक मारल्यार अर्जुनाचें निमें बळ कमी जातलें अशें कौरवांनी चिंतिल्लें. पुण अभिमन्यु भुरगो जरी जालो... तो पराक्रमी..... शींवाचो पील. आपले दुस्मानांक खचाखच कातरून उडयले उपरांतच

तो हत जालो. आतां ताचे स्थान वीरस्वर्गांत. तो मान सगल्यांक मेळना. कित्याक व्यर्थ दुःख करता? आदीं कितले व्हडले व्हडले महानुभाव आशिल्ले.... एक ना एक दीस सगल्यानी वचपाचेंच." अशें म्हणत व्यासान युधिष्ठिराक प्रसिद्ध सोळा लोकां ची काणी सांगली.

व्यास आनी युधिष्ठिराचें अशें उलोवणे जायत आसताना अर्जुन, सुभद्रा आनी अभिमन्युची बायल उत्तरा थंयसर पावलीं आनी सगल्यानी व्यास मुनीक नमस्कार केलो. "येयात युधिष्ठिराक सांगिलेंच उतर तुमकांय सांगतां, अभिमन्यु भिजूड जावन मरूना. वीराभशेन झूजुन वीर स्वर्गच फावो जाला. आतां जरी तो ना, ताचीं कर्तुबां फामाद जाल्यांत. ताचें नांव उच्चारण करपाचें तुमचे वंशाचें मानचिन्न जावन आसा. तुमी कोणेय दुःख करपाक नजो आतां...... बाय गो उत्तरा, ...तुज्या गर्भांत पांडव कुळाची कीर्त ऊंचावपी चक्रवर्ती

जल्मा येवपाचो आसा. दख्खां विसर... धैर्य घे.... अशें सगल्यांक समाधान केलें.

"युधिष्ठिर, आतां तरी समाधान जालें तुका? रानांत वचपी विचार सोडून दिलो?" हासत विचारलें व्यासान.

"व्हय गुरुवर्य..... तो विचार मनांतल्यान काडून उडयलो." अशें म्हणत युधिष्ठिरान व्यास मुनीक नमस्कार केलो.

व्यासमुनीन सगल्यांचो निरोप घेतलो आनी आपले आश्रमाक प्रस्थान केलें.

"मेल्ले परतून आयले!"

अशें खूब दीस गेले. धृतराष्ट्र, गांधारी, कुंती हीं सगलीं खूब म्हातारीं जाल्लीं. राजवाड्यांत रावप, गांवची धांवपळ आदी उपद्व्यापाचो तांका वाज आयिल्लो. पयस

रानां वनांत आश्रम बांदून नितांत रावप, ही तांची इत्सा आशिल्ली. युधिष्ठिर आदींक सांगून, तांची फाट लागून तीं रानाक वचपाक भायर सरलीं. ही गजाल जेन्ना व्यासाक कळ्ळी, ताणें अर्धरस्त्यावयल्यानूच तांका आपले आश्रमांत व्हेलें. सगलीं थंय एक म्हयनोभर रावलीं.

तेन्ना गांधारीक युद्धांत मरण पाविल्ले आपले भुरग्यांक पळोवपाची आशा जाली. धृतराष्ट्राकूय तीच इत्सा आसली. व्यासाक हें सांगतकूच व्यासान पांडवांकूय हस्तिनावतींतल्यान हांगसर आपोवन हाडयलें. एक नीश्चीत दिवस गंगानदीचे काठार रात्र जावची म्हण सगले रावताले.

रातच्या त्या काळखांत व्यासान गंगा नदींत उबो रावन मरण पाविल्ले सगळयांचीं नांवा एएक करून उलो केलो. सगले एक एकटे येवन गंगा नदीचे तीराचेर उबे रावले. एका वाटेन दुर्योधन आनी ताचे भाव आनी

एके वाटेन कर्ण, अभिमन्यु आदी युद्धांत मरण पाविल्ले हेर नातेवाईक. कोणाचो बापूय, कोणाचीं भुरगीं, आनी कोणाचे भाव–बंधू, ... एका–मेकांक पळयत सबंद रात खोस पावले. ती अख्खी रात एक घडिशी संपली. फांलें जाता म्हणासर भायले लोकांतल्यान आयिल्ले सगले मायक जाले.

अशें दीस फुडें सरत फुडें सरत छत्तीस वर्सां गेलीं. एक दिवस श्री कृष्णान सुद्धां देह त्याग केलो. अर्जुनाक हो वियोग कशेंय सोसपा नजो जालो ...तांणे व्यासाचे आश्रमाक येवन तांचे पांयार पडून लोळत, ही दुख्खाची बातमी सांगली. व्यासाक ती बातमी पयलेंच खबर आशील्ली.

"अर्जुना किद्याक अशें बेटें दुःख करता? कृष्णान ज्या कामा खातीर जल्म घेतिलो तें काम सोंपयलें. आतां आमकां ताची याद मात्र. तुमीय इतले तेप राज्यभार

केला, कीर्त मेळयल्या. आतां द्वापरयुगाचो शेवट लागीं आयलां. आतां तुमीय सर्गाक वचप हें बरें आनी सारकें दिसता म्हाका. हांव अशें म्हण्टालो म्हणून युधिष्ठिराक सांग चल." अशें म्हळें.

"गणपतीन बरोवन काडलें"

अशें द्वापरयुगांत जल्मल्या व्यासान त्या काळांत घडिल्लें सगळें पळयिल्ले. व्यास सगल्यांक वडील जावन आशिल्लो. चूक कोणेय जरी केली तांका सहानुभूतीन सारकी वाट दाखयतालो. व्यासमुनी म्हळयार सज्जनांक भक्ती आनी गौरव, दुर्जनांक दुस्वप्न –भिरांकूळ. व्यासमुनीचे सामकार कितले तरी व्हडले व्हडले वंश घडले, वाडले आनी मोडले. तप:शक्तीन आनी योग शक्तीन ऋषीलोक शंभरानशी वरसां जगतात. मन केल्यार म्हातारपणच कित्याक मरणसुद्दां जिकपा शकताले

व्यासमुनी. इतलें सगलें सामर्थ्य प्राप्त ऋषी ते. आतांय ते बदरींत वास करतात अशें लोक मानतात.

महाभारताची कथा अख्खे संवसाराक कळीत केल्लीच व्यास महर्षीन. ही गजाल कवतुकेची आसा ती अशें –

महाभारत युद्‌ध सोपिल्ले खूब तेपान एक दिस ब्रह्मदेव बदरीकाश्रमाक आयले.व्यासमुनीन तांका यथायोग्य गौरवान येवकार केलो. क्षेम–समाचाराच्यो गजाल्यो चल्यो –

"ब्रह्मदेव, हें किदें? ... सत्यलोक सोडून खूब पयस आयलो..."

"व्हय मुनीश्रेष्ठ, तुजनिमतान एक काम जावपा आसलें."

"सांग ... किदें काम तें ?"

"आनी कांयना ... तूंवे महाभारत झूज प्रत्यक्ष पळयलां. त्या तेपार आशिल्लीं व्यक्तिमत्वां सगलीं वळखता, तूं, तांचे लागीं वावुरलायबी तूं. तूं नकळ असलो कांयच विशय ना. देखून तूंवें ही कथा बरयल्यार खूब रुचीक जातलें आसलें." म्हळें ब्रह्मान.

"तें खरें आसा .... जाल्यार हांवे कथा सांगत सुटल्यार बरोवन काडटाल्याक सोदपाचो खंय? तूं सांग, तूं जाण कोणतरी?"

"आरे ..... आमचो गणपती .... गणेश. खूब चलाख ...... हुशार बी. ताका फुसलावन धाडूं की किदें?"

"तशेंच कर" अशें व्यासान जाप दिली. ब्रह्म परत गेलो. कांय दिसानीं विनायक आपलें वाहन उंदराचेर बसून व्यासाचे आश्रमाक पावलो. व्यास त्या वेळार दोळे झाकून ध्यानांत बशिले.

"नमस्कार मुनीवर्या" पांयां पडत गणपतीन मोठयान सांगलें. व्यासान ल्हवू दोळे उघडून पळयले .... गणपती आयला ...... "यो यो गणपती, एवकार तुका." अशें म्हणत गणपतीक तो भितर आपोवन घेवन गेलो. "हांवे आयिल्लो उद्देश जाणा मूं ऋषीवर्य... ?" व्यासाचे सामकार बसत ताणें विचारलें.

"जाणा जाणा .... ब्रह्मानंमू तुका हांगा धाडून दिला?" व्यास मुमुरखें हासत म्हणपा लागले.

"तर सुरवात करा .... बेगीन बेगीन सांगा .... बरोवन घेतां"

"बरें आसा ...... बरय" व्यासमुनी नीट बसले.

"पुणून एक अट आसा ...."

"कितें तें ?".

"मुनीवर्य, कथा तूंवें एक धारेंनी सांगपा जाय. खंयच थांबोवपा नजो. घोड्यान धांविलेभशेन तुमी सांगत वचात आनी हांव उदक पियेल्ले तितलें सरळ आनी निरायासपणान बरयत वतां. कथा सांगतांना मदेंच तूंवे थांबयली जाल्यार हांव हातानीं घेतिल्लें काम थंयच सांडून वतलों." हरकत ना. भुरगो ल्हान जाल्यारुय शिटूक आसा. आपणे सांगपाची कथा बरोवन काडपाक असलोच भुरगो जाय आसलो ..... अशें विचार केलो व्यासान. व्यास किदें सामान्यसो की? सर्वज्ञानी तो. ताणींय एक शर्त घाली.

"बरें आसा. हांव कथा सांगत चलतां आनी तूं आयकत उतार काड. पुणून म्हजेंय एक शर्त आसा. हांव जें सांगतां ताचो पुराय अर्थ लक्षांत घेवन बरोवका. तरच तुजे शर्ताक म्हजी कबूली आसा.

दोगांनी एकमेकाचीं शर्त मानून घेतलीं; कथा सांगपाक आनी बरोवपाक सुरवात जाली. व्यास मुनी सांगत चलले आनी गणपती बरयत. व्यासान श्लोकाचो एक चरण सांगचे भितर गणपती तें पूर्ण करून..... "हां फुडें सांगा .....फुडें सांगा ...." अशें म्हणा. महाभारताची कथा खूब मोटी. तांतून एवपी महान व्यक्ती असंख्य. स्वारस्यपूर्ण विशय तर कितलेशे, कथेचो आवाठ अशें आसताना एक घडीभर सुद्दां सुसेग न घेतां सांगप तितलें सोपें न्हय. व्यासमहर्षीय अगाध ज्ञानी; बुदवंत. गणपतीन ताकतीक करतकच व्यासान एक कठीन सो श्लोक सांगपाचो .... तेन्ना गणपती ताका अर्थ समझून बरोवचे मेरेन मुनी फुडेले काणयेची पीठिका येवजिताले! अशें गणपतीन कळाव करून बरयल्ले श्लोकाक "व्यास रहस्य" अशें वळखुपाची पद्धत आसा.

"संवसार भर प्रसारीत जाली"

व्यासाले शिश्याचें नांव वैशंपायन. आपले गुरूंची सेवा करीत तो थंयच रावतालो. व्यासान सांगून गणपतीन बरयत आसताना वैशंपायन थंयच बसून आयकतालो. सहज जावन त्या काणयेक तो आकर्शीत जालो. ही महाकथा सबंद संवसाराक कळ्यार कितलें बरें जातलासलें अशें ताका दिसलें.

त्या दिसांनी हस्तिनावतींत जनमेजय नांवाचो राजा राज्यभार करतालो. तो अर्जुनाचो पणतो. व्यासमुनीन महाभारत युद्‌ध स्वता दोळेन पळयल्लो विशय तो जाणा आसलो. आपले वंशाचे म्हालगडयाली काणी व्यासाचेच तोंडान आयकुपा जाय अशें आशा बाळगितालो. पुणून व्यासमुनी सारके श्रेष्ठ मनशाक निमंत्रण दिवचे तरी कशें? आपले मंत्री–महाजनां वांगडा भासाभास करून जनमेजयान राज्यांत एक मोटें याग करपाचें म्हण

थारायलें. याग म्हण्टकच सगले ऋषी – मुनींक आमंत्रण वतलेंच ..... कोणेंय येना म्हणप अशें ना.

अशें चिंतून जनमेजयान व्यासमुनीक निमंत्रण दिवपाक आपले राजपुरोहिताक धाडलें. थोडे दिसांनी सगले ऋषी आपले शिश्यां सकट हस्तिनावतीक आयले. यज्ञ खूब बरे रितीन पारपडलें. जनमेजयान व्यासमुनीक आनीकूय थोडे दिवस रावून आपलें आतिथ्य स्वीकार करप अशीं विनंती केली.

"गुरुवर्य, ... तुमी आमच्या म्हालगडयांक सगल्यांक पळयलां. तांचे चरित्र जाणा तुमी. ती कथा आमका सांगपाची कृपा करा". व्यासान "तशेंच जांवो. आमचो शिश्य वैशंपायन सुरबूस करुन सांगतालो." अशें म्हणत वैशंपायनाक महाभारताची संपूर्ण कथा सांग अशें आदेश दिलो. वैशंपायनान आपले गुरु व्यासान सांगिले प्रमाणेच सांगली. राजा जनमेजयान आपलें

बळगें सांगात घेवन बसून कथा संपूर्ण आयकली. आयकुप्यांत उग्रश्रव नांवाचो एक ऋषीय आशीलो. ही कथा गायन ताणें आयकल्लें. तशेंच थोडे दिसा उपरांत नैमिष नांवाचे रानात एक याग घडोवन हाडिल्लो आनी हो ऋषी उग्रश्रव थंय पाविल्लो. थंय ताणें ही कथा सांगली. अशें मुकार ही कथा कानोकानीं जायत सगले संवसार भर पसरली.

व्यासमुनीन वेदांची विंगडना केल्ली म्हण सांगिलमू तुमकां? ऋग्वेद, यजुर्वेद, सामवेद आनी अथर्वण वेद हेच ते चार विभाग. पयलें हे सगले विभाग एकत्र आशिले. पैल, वैशंपायन, जैमिनी आणी सुमंतु – नांवाचे चार शिश्यांनी हे चार वेद संवसाराक पसरायले. वेदाचे अर्थाचें गुपीत सांगपाखातीर व्यास महर्षीन ब्रह्मसूत्र बरयलीं. तीं सुद्दां अर्थ करून घेवपाक त्रास जाता अशें दिसचें कडेन आदलेतेपाचे महानुभावांच्यो गजाली, विणून घेवन आशिल्यो नीतीकथांचे समावेश करून

अठरा पुराणां बरयलीं. नंतर "हरीवंश" नांवाचें ग्रंथूय बरयलें. हांतून श्री कृष्णाचे· चरित्र आसा. हें शेवट बरयल्लें. हाचे परस मातशे पयलें सांगून बरयशिल्लेंच महाभारत कथा. तांतून आसपाव ना असलो एकूय विशय ना. हाका "पंचमदेव" आशेंय म्हण्टात. "जय" हें ताचें आनी एक नांव. ज्या पवित्र ग्रंथाचे नाममात्र स्मरणेन संवसारांतले ज्ञानी लोक भक्तिभावान नमस्कार करतात की तसले "भगवद्गीते"चो आसपाव ह्याच महाभारत कथेंनी आसा. अशेतरेन व्यासमहर्षीन आमचे देशाक गिन्यानाची व्हडली गिरेस्तकाय दिल्या.

आमचे पुराणांनी उल्लेख जावपी कितलेक महापुरुषां मजगतीं महामहीम म्हळयार व्यासमुनी. ताणीं आपले खातीर कांयच अपेक्षा धरुंना. स्वार्थ द्वेश असले कांयच दुर्गुण नासले तांचे कडेन. तांचे मन निर्मळ, सूर्य प्रकाशाभशेन ज्ञानी आनी विवेकी. आपले जीवितांत

शंतनु ते जनमेजय पर्यंत सात पिळगी पळयल्ले महानुभाव, श्री कृष्ण, भीष्म, धृतराष्ट्र, धर्मराय, दुर्योधन आदी पर्वता सारखे मानेस्तां बरोबर वावुरले. पीडितांक, दुख्खितांक अमृतासारकी गोड उतरां सांगलीं. बरे लोकांक धीर दिलें. स्वता अग्निभशेन परिशुद्ध आनी पवित्र चाल-चलन केलें. असले महानुभावांली एकेक काणी सुद्दां आमचे जीवनाचो काळोख निवारण करून बरीवाट दाखोवपी पर्जळीत दिवे अशें म्हणुंयेता.

विश्व कोंकणी

बालसाहित्य

माळा

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान

विश्व कोंकणी केंद्र, कोंकणी मार्ग, शक्ती नगर, मंगळूर

फोन: 0824 - 2231877, 2231887 वेबसाइट: www.vishwakonkani.org

₹ 20/- only